गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी - गोंय
पत्रक

**<u>दिवचले शास्त्रीय संगीत कार्यावळ</u>**

ता .२७ नोव्हेंबर २०१९
०६ मार्गशीष १९४१

भारतीय सांस्कृतीक संबंध गोंय मंडळान दिवचलच्या स्वर बहार संगीत मंडळाच्या जोड पालवान ता. ३० नोव्हेंबर २०१९ दिसा सांजेच्या ६.०० वरांचेर दिनदयाळ उपाध्याय सभाघर शांतादूर्गा हायस्कुलालागी, दिवचल हांगा नामनेचे हिंदूस्तानी शास्त्रीय संगीत गायक श्रीमती गौरी पठारे आनी युवा हिंदूस्तानी हार्मोनियम वादक श्री. ओंकार अग्निहोत्री हांच्या सादरी करणाची संगीत कार्यावळ आयोजीत केल्या,

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे ह्या कार्यावळीचे मुखेल सोयरे आसतले, जाल्यार गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. राजेश पाटणेकर हे मानाचे सोयरे आसतले. दिवचल नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री. सतीश गांवकर हेवूय कार्यावळीक हजर आसतले.

ही कार्यावळ लोकाखातीर फुकट आसतली. चड म्हायती खातीर ०८३२-२७१११२०/२१ ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ प्रधु/ २०१९/ ८०६

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA